- भारतान उर्जा प्रकल्पांक अर्थीक आदार दिवपा खातीर भूतानाक 4 हजार कोटी रुपयांची सवलतीच्या दरात कर्ज मदत जाहीर केल्या.
- बिहार विधानसभा वेंचणूकेट आतां मेरेनच्या सगळ्यांत चड इतिहासीक 66.91 टक्के मतदान जाले
- दिल्ली मोटार स्फोट घडणुकेंत सहभागी आशिल्ल्या सगळ्यांचेर तपास यंत्रणां कठोर कारवाई करतली, असे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी सांगले.
- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज गैबोरोनात बोत्सवाना चे राष्ट्रपति ड्यूमा बोको हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतल्यो.
- आयज लोकसेवा प्रसारण दीस.

PM – 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भूतान भोंवडेच्या दुसऱ्या दिसा थिंफूच्या चांगलीमीथांग स्टेडियमांत घडोवन हाडिल्ल्या कालचक्र अभिषेक सुवाळ्याक हाजीर रावतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल थिम्पूत भूतानाचे राजा जिग्मे खेसर नामग्येल वांगचुक हांची भेट घेतली.द्विपक्षीय संबंद आनीक खोल आनी घटमूट करपा विशीं दोनूय फुडाऱ्यांनी विचार विनिमय केलो. तांणी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आणि जागतिक मुद्द्यांचेरूय चर्चा केली.

तशेंच ताच्या हाजिरेंत द्विपक्षीय सहकार्य आनीक घटमूट करपा खातीर नवीकरणीय उर्जा, मानसीक भलायकी आनी भलायकी जतनाय ह्या मळार तीन समाजिकाय कबलातींचे दिवप घेवप जाले. ह्या वेळार भारतान उर्जा प्रकल्पांक अर्थीक आदार दिवपा खातीर भूतानाक 4 हजार कोटी रुपयांची सवलतीच्या दरात कर्ज मदत जाहीर केल्या.

Prez – 50

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज गैबोरोनात बोत्सवाना चे राष्ट्रपति ड्यूमा बोको हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, उर्जा, शेती, भलायकी, वखदां, संरक्षण, आनी लोकां मदले संबंद अशा मळार द्विपक्षीय सहकार्य वाडोवपा खातीर नव्या संदिचेर ति चर्चा करतली. राश्ट्रपती आंगोलाची भोंवडी सोंपयतकच काल सांजवेळा बोत्स्वानाची राजधानी गॅबोरोन शारांत पावल्यो.

Shah – 80

दिल्ली मोटार स्फोट घडणुकेंत सहभागी आशिल्ल्या सगळ्यांचेर तपास यंत्रणां कठोर कारवाई करतली, असे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी सांगले. गृहमंत्र्याचे अध्यक्षते खाला काल नवी दिल्लींत वरिश्ठ अधिकाऱ्यां बरोबर सुरक्षा नियाळ बसका जाली. सोमारा सांजवेळार राष्ट्रीय राजधानींतल्या लाल किल्ल्या लागसार मोटार स्फोट जाले उपरांतचे परिस्थितीचो नियाळ बसकेंत घेतलो. स्फोट घडणुकेंत आस्पाव आशिल्ल्या दरेका गुन्यांवकाराचो सोद घेवपाचो निर्देश तांणी अधिकाऱ्यांक दिलो.जम्मू-काश्मीराचे पुलीस महासंचालककान व्हर्च्युअली हे बसकेंत वाटो घेतलो.

मजगतीं, गृह मंत्रालयान हे घडणुकेची चवकशी राष्ट्रीय तपास एजन्सी (एनआयए) कडेन दिल्या. शारांतल्या सगल्या संवेदनशील वाठारांनी सुरक्षा कडक केल्या.

Delhi raids – 55

दिल्ली-एनसीआर आणि पुलवामात साबार सुवातींचेर घाल्ल्या धाडींत सुरक्षा संस्थांनी मोठ्या प्रमाणात स्फोटका जप्त केली. सूत्रांनी दिलेल्या म्हायती प्रमाण हरियाणाच्या फरीदाबादात या महिन्याच्या ९ आणि १० तारखेक मारिल्ल्या छाप्यांत, एजन्सींनी सुमार ३ हजार किलो स्फोटके, डेटोनेटर्स, टायमर आणि हेर बॉम्ब तयार करपाचे साहित्य जप्त केले.

Lok seva – 25

आयज लोकसेवा प्रसारण दीस. हो दीस दर वर्सा 12 नोव्हेंबराक राष्ट्रपिता आनी सुटके झुजारी महात्मा गांधीच्या इतिहासीक रेडिओ च्या माध्यमातल्यान दिल्ल्या इतिहासीक भाषणाच्या उगडासात मनयतात.

Rajnath – 50

दिल्ली संरक्षण संवाद वेगवेगळ्या संरक्षण आनी सुरक्षा आव्हानां विशीं खोलायेन चर्चा करपा खातीर एक मुखेल मंच म्हणून उदेला अशें राजनाथ सिंग हांणी सांगलें. ते काल नवी दिल्लीत दिल्ली संरक्षण संवादात उलयताले.

Bihar – 90

बिहार विधानसभा वेंचणूकेट आतां मेरेनच्या सगळ्यांत चड इतिहासीक 66.91 टक्के मतदान जाले.६ नोव्हेंबर आणि ११ नोव्हेंबराक सगळ्या २४३ विधानसभा मतदारसंघांखातीर दोन टप्प्यानि मतदान जाले. नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें, बिहाराच्या मतदारांनी स्वतंत्र भारतांत इतिहास निर्माण केला. तांणी सांगलें, 1951 उपरांत जाल्ल्या सगळ्या वेंचणुकांनी सगळ्यांत चड मतदान टक्केवारी 2025 वर्सा नोंद जाल्या जी सुमार 66.9 टक्के आसा. ह्या वेंचणुकेचो एक उल्लेखनीय पैलू म्हळ्यार बायलां मतदारांनी उमेदीन वांटो घेतिल्लो, तांणी दादल्यां परस चड प्रमाणांत मतदानात वांटो घेतलो अशें आमच्या प्रतिनिधींन कळयलां.

शुक्रारा मतमेजणी जातली.

By polls – 40

सात राज्यांतल्या आठ विधानसभा मतदारसंघानी काल पोटवेंचणूक जाली. ह्या पोटवेंचणुके खातीर मतमेजणी 14 नोव्हेंबराक बिहार विधानसभा वेंचणुके बरोबर जातली.

Jaishankar – 70

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आज कॅनडाच्यो परराष्ट्र मंत्री अनिता आनंद हांच्या निमंत्रणाचेर जी-7 विदेश मंत्र्यांच्या आउटरीच पार्टनर्स बरोबरच्या बसके खातीर कॅनडाच्या ओंटारियो शाराक भेट दितले. जी-7 परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेचे वेळार डॉ.जयशंकर द्विपक्षीय बसका घेवपाची अपेक्षा आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. मंत्रालयान मुखार सांगलें, परराश्ट्र मंत्र्याच्या सहभागांतल्यान संवसारीक आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर आनी आंतरराष्ट्रीय मंचाचेर ग्लोबल साउथचो आवाज घटमूट करपा खातीर आंतरराष्ट्रीय भागीदारां बरोबर काम करपाची भारताची सतत वचनबद्धताय दिसून येता.

Goyal – 100

केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी भारताच्या औद्योगिक विकासाक गती दिवपाखातीर गुणवत्ता नियंत्रण, व्यवसाय सुलभता आणि स्थिरतेच्या गरजांचेर भर दिला. नवी दिल्लीत एका उद्योग मेळाव्यात उलयतना गोयल हानी म्हळें, स्पर्धात्मक औद्योगिक परिसंस्था वाढवपाखातीर जमिनीची उपलब्धता, मजबूत पायाभूत सुविधा, प्रोत्साहन, भ्रष्टाचारमुक्त वातावरण आणि वेळेत मंजुरी व्यवस्था हि महत्त्वाच्या आसात. भारतीय उद्योगांखातीर जागतिक संधींचो विस्तार करपाक मुक्त व्यापार करारांची महत्वाची भूमिका तांणी अधोरेखित केली. औद्योगिक विकासाक गती दिवपाखातीर केंद्र-

राज्यांच्या घटमूट सहकार्याचे महत्त्व गोयल हाणी अधोरेखित केले. राज्यां कडल्यान मेळिल्ल्या अहवालांचो नियाळ घेतले उपरांत तांणी म्हळें,भारतांतल्या दरेका राज्यान बऱ्यो पद्दती विकसित केल्यात, देखून प्रत्येकजण एकामेकांची पद्दत आपणावंक शकता आनी आपल्या बळग्याचेर काम करपाक शकता.

Jal – 95

सव्या राष्ट्रीय जल पुरस्कारांत महाराष्ट्रान सर्वोत्कृष्ट राज्य श्रेणीत पयली सुवात मेळयल्या. केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी आर पाटील हांणी जाहीर केल्ले हे पुरस्कार देशभरांतल्या उदका संवर्धन आनी वेवस्थापनांतल्या उत्कृश्ट यत्नांक मान्यताय दितात.

गुजरात आनी हरियाणाक अनुक्रमान दुसरें आनी तिसरें स्थान मेळ्ळां.अंदू सर्वोत्तम जिल्हा, सर्वोत्तम ग्राम पंचायत, सर्वोत्तम नागरी स्थानिक संस्था आणि सर्वोत्तम संस्था संयत धा विभागांतल्यान 46 विजेते वेंचून काडल्यात. 18 नोव्हेंबराक नवी दिल्लींत जावपी सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हे पुरस्कार भेटयतल्यो.

Railway – 85

ऑपरेशन नन्हे फरीश्टे खाला रेल्वे पुलीस दळान (RPF) अंदू जानेवारी ते ऑक्टोबर ह्या काळांत भारतीय रेल्वेचेर 16 हजारां परस चड भुरग्यां सुटका केल्या अशी म्हायती रेल्वे मंत्रालयान दिल्या. मिशन जीवन रक्षा खाला आरपीएफान त्याच काळांत दोन हजारां परस चड लोकांचो जीव वाटायला. ड्रग्स वेव्हारा संबंदीत कारवायांचेर ऑपरेशन नार्कोस खाला आरपीएफान 197 कोटी रुपयां परस चड मोलाचें अमली पदार्थ जप्त केल्या अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या.

वॉकथॉन - ८०

पुणे आरपीओ म्हळ्यार प्रादेशिक पासपोर्ट कार्यालयान  केंद्रिय अन्वेषण विभाग (सीबीआय) पुणे, टपाल विभाग, पुणे पोलिस आयुक्तालय आनी टाटा कन्सल्टन्सी सर्विसेस (टीसीएस) कंपनीच्या सहकार्यान वॉकथॉनचे आयोजन केल्ले. सतर्कता जनजागृती अभियान 2025 खाला आयोजित ह्या वॉकथॉनात एकचाराखातीर वचनबद्धताय, पारदर्शकताय आनी भौशीक सेवे कडेन जापसालदारकेच्या मुल्यांचेर भर दिलो. सीबीआय पुणेच्यो उप महानिरीक्षक सारा शर्मा हांणी हेर विभागांच्या अधिकाऱ्यांसयत ह्या वॉकथॉनचे फुडारपण केले.

IMD – 40

भारतीय हवामान खात्यान आज तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात उटनगराचो अदमास उक्तायला. मध्य प्रदेशात सामके कुडकुडयाचे शि पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तशेंच फुडले तीन दीस दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, उदेंत राजस्थान, छत्तीसगडांत थंडीची लाट येवपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां.

T20 – 60

दृष्टिबाधित बायला खातीरच्या पहिल्या वहिल्या टी-२० विश्वचषक क्रिकेट सर्तीत भारतान जैतान सुरुवात केली. नवी दिल्लींत जाल्ले पयले मॅचींत येजमान भारतान श्रीलंकेक धा विकेटींनी हारयलो. भारत, श्रीलंका, अमेरिका, नेपाळ, ऑस्ट्रेलिया, पाकिस्तान अशे स पंगड ह्या सर्तींत वांटो घेतात.

FIDE बुद्धिबळ - ११०

गोंयात सुरू आशिल्ल्या FIDE बुद्धिबळ संवसारीक कप २०२५ च्या चौथ्या फेरीयेच्या पयल्या खेळात काल भारताच्या अव्वल खेळगड्यांनी आपले वर्चस्व तिगोवन दवरले. आर. प्रज्ञानंदान रशियाच्या डॅनिल दुबोव्हआडच्या कठीण स्थितीतल्यान भायर पडून हो खेळ बादाबाद दवरपाक येस मेळयले